आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

प्रादेशिक खबरा

Date :1 8 /03/2025   7.20 pm

मुखेल खबरो

- देशाच्या इतिहासांतली एक म्हत्वाची घडणूक म्हूण महाकुंभ 2025chi नोंद जातली अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज लोकसभेंत सांगलें.
- मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज नवी दिल्लींत केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हांची भेट घेवन वेगवेगळया विशयांचेर चर्चा केली.
- AI तंत्रज्ञान ही फुडाराची गरज आसा ताका लागुन AI मळार करीयर घडोवप्यांक तरणाट्यांक खुप संद आसा अशे मत म्हायती आनी तंत्रगीन्यान खात्याचे मंत्री रोहन खंवटे हांणी सांगले
- पुराय देशासयत गोंयांत आतां आठवी अर्थीक जनगणना जातली.
- ६३ व्या महाराष्ट्र राज्य हौशी मराठी नाट्य सर्तींत गोंयच्या रुद्रेश्वर संस्थेन सादर केल्ल्या मिडिया ह्या नाटकाक स लाख रुपयांचें पयलें इनाम फावो जालां

110

देशाच्या इतिहासांतली एक म्हत्वाची घडणूक म्हूण महाकुंभ 2025chi नोंद जातली अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज लोकसभेंत सांगलें. ह्या व्हड मेळाव्यांत कोट्यानी भाविक वांटेकार जावन विविधतायेंत एकचार हे भारताचे खाशेलपण संवसारान पळयले अशें तांणी सांगलें. जेन्ना पुराय संवसार आव्हानात्मक काळांतल्यान वता तेन्ना एकचाराचें हें भव्य प्रदर्शन देशाचें सगळयांत व्हडलें बळगें आसा . अशे तरेचे उत्सव आमच्यो परंपरा आनी दायज सांबाळपाची आनी प्रचार करपाची भावना घटमूट करता अशें तांणी मुखार सांगलें. भारतांत जायत्यो न्हंयो आसात आनी तातूंतल्यो कांय न्हंयो धोक्यांत आसात अशें उदका संवर्धनाचे म्हत्व उक्तायतना ताणा म्हळा . महाकुंभांतल्यान ऊर्बा घेवन न्हंय ऊत्सवाचो विस्तार करपाच्या गरजेचेर तांणी भर दिलो. हाका लागून नवे पिळगेक उदक जतनाये चे म्हत्व कळतले अशें प्रधानमंत्र्यानी म्हटला.

गणेश

राज्यांत मंत्रीमंडळ फेरबदलाचेर चर्चा चालू आसतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज नवी दिल्लींत केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हांची भेट घेवन वेगवेगळ्या विशयांचेर चर्चा केली. फौजदारी कायदे, खण वेवसायांतल्या नव्या घडामोडींची म्हायती केंद्रीय गृहमंत्र्यांक दिल्या अशी म्हायती मुख्यमंत्र्यांनी दिली. तशेंच राज्याचें प्रशासन आनी उदरगती विशींय अमित शाह हांचें कडल्यान मार्गदर्शन घेतिल्ल्याची म्हायती मुख्यमंत्र्यांनी दिल्या.सभापती रमेश तवडकार हांणी बेगीनूच मंत्रीमंडळांत फेरबदल जातलो असो संकेत दिल्या उपरांत मंत्रीमंडळ फेरबदलाचेर परतून चर्चा सुरू जाल्या. डॉ. सावंत 26 मार्चाक 2025- 2026 वर्सांचो अर्थसंकल्प सादर करतले. हे फांटभूंयेर तांचे दिल्ली भेटेक म्हत्व मेळ्ळां.

AI तंत्रज्ञान ही फुडाराची गरज आसा.सगळ्या क्षत्रात AI चो उपेग जातले हे सध्याचे स्पश्ट चीत्र,ताका लागुन AI मळार करीयर घडोवप्यांक तरणाट्यांक खुप संद आसा अशे मत म्हायती आनी तंत्रगीन्यान खात्याचे मंत्री रोहन खंवटे हांणी सांगले.ते पणजे आयोजित AI परीशदेत मुखेल सोयरे म्हण उलयताले. गोंयात AI कंपन्यानी तांचे start up सुरू करचे,गोयांत ह्या कंपन्यांक लागपी मनीसबळ आसा अशे मंत्री गोविंद गावडे हांणी म्हणला. गोंय सरकार प्रशासनात लेगीत AI चो उपेग करपाक महत्व दीता. Goa online ही सेवा whats app चेर उपलब्ध करून दीवच्या दीखेन काम सुरू आसा,तशेंच सरकार start up धोरणांत दुरूस्ती हाडपाचे अशी म्हायती मंत्री रोहन खंवटे हांणी दील्या. तशेंच digital nomed visa प्रक्रीया सुरू करपाखातीर काम सुरू जाला,हे शिवाय गोंयची IT industyविशी फुडल्या म्हयन्यात वेगवेगळ्या राज्यांनी road show करतले अशी म्हायती मंत्री रोहन खंवटे हांणी दील्या. गोयांत AI चो उपेग शेतकी तशेंच पर्यटन मळाक उर्बा दीवपाक जांक शकता अशे ह्यावेळार परीशदेचे मुखेल वक्तेआनी google clod चे अधिकारी सिद्धार्थ प्रकाश हांणी सांगले जाल्यार IT वेवसायीक प्रज्योत माईणकार हांणी AI मळार तरणाट्यांक रोजगाराखातीर सुप संद आसा अशे म्हणला.ह्या परीशदेक IT मळार शिक्षण घेवपी विद्यार्थी तशेंच IT वेवसायीक हाजीर आशील्ले.

पुराय देशासयत गोंयांत आतां आठवी अर्थीक जनगणना जातली.दरेकल्याची येणावळ,मालमत्ता हाची म्हायती एकठांय करुन अहवाल तयार जातलो.अर्थीक जनगणने

खातीर जिल्हो तशेंच राज्य पावंड्या वयली समिती नियुक्त जाल्या.हे विशींचीय अधिसुचोवणी ज्यारी जाल्या.२०२५_२६ त पुराय देसांत आठवी अर्थीक जनगणना करपा विशींचें आदेश केंद्रीत नियोजन आनी सांखिकी मंत्रालयान ज्यारी केल्या.ते प्रमाण दरेका राज्याक अर्थीक जनगणनेचो वावर करचो पडटलो.मुखेल सचिवांच्या फुडारपणाखाला राज्य पावंड्या वयली समिती स्थापन जाल्या.नियोजन आनी सांखिकी खात्याचे आयुक्त आनी सचीव,पंचायत सचीव,नगरपालिका आयुक्त आनी सचीव,उद्देग सचीव,कामगार सचीव, राष्ट्रीय सर्वेचे उपसंचालक, उत्तर आनी दक्षीण गोंय जिल्होधिकारी,msmeसंघठणेचो प्रतिनिधी,एन आय सी चो राज्य म्हायती अधिकारी हें समितीचे वांगडी आसात.नियोजन आनी सांखिकी खात्याचे संचालक हें वांगडी सचीव आसात.अर्थीक सर्वेक्षणाचो नियाळ घेवपासयत तंत्रीक आनी प्रशासकी आडखळी पयस करपाची जापसालकी समितीची आसा.

100

६३ व्या महाराष्ट्र राज्य हौशी मराठी नाट्य सर्तींत गोंयच्या रुद्रेश्वर संस्थेन सादर केल्ल्या मिडिया ह्या नाटकाक स लाख रुपयांचें पयलें इनाम फावो जालां अशी म्हायती सांस्कृतीक कार्य संचालक विभिषम चवरे हाणी उजवाडायिल्ल्या पत्रका वरवीं कळीत केलां.हे सर्तींत उत्कृश्ठ दिग्दर्शन खातीर रुद्रेश्वराच्या गंगाराम नार्वेकार हांकां पयलें इनाम फावो जालां जाल्यार वैश्णवी काकोडे हांकां उत्कृश्ट अभिनया खातीरचेंइनाम घोशीत जालां.सर्तींतलें बरें रंगवणे खातीरचें पयलें इनाम एकनाथ नायक हांका फावो जालां ज़ाल्यार रंगमाची मांडावळी खातीर चें तिसरें इनाम योगेश कापडी हांकां जाहीर केलां.सर्तींत  रुद्रेश्वराच्या मनुजा नार्वेकार लोकूर हांका अभिनया खातीरचेंइनाम घोशीत जालां.ही सर्त १७ फेब्रुवारी ते१५ मार्च मजगतीं बांद्रा मुंबयच्या रंगशारदा नाट्यमंदिरांत जाली.सर्तींत वट्ट ४४नाटकां सादर जाल्लीं.

Dip 35

उत्तर जिल्हा आनी सत्र न्यायालयाचे मेरशे  स्थलांर

उत्तर जिल्हा आनी सत्र न्यायालय आनी नागरी आनी फौजदारी न्यायालयाचे स्थलांर मेरशे हांगा नव्या इमारत प्रकल्पात केला. ह्या न्यायालयां संबंदीत पत्रवेव्हार जिल्हा आनी सत्र न्यायालय, उत्तर गोंय, नवो जिल्हा न्यायालय प्रकल्प, मेरशी तिसवाडी ह्या नाम्याचेर करचो.

55

चेन्नयच्या ललीत कला केंद्राच्या प्रादेशीक केंद्र आनी गोंयच्या कला आनी संस्कृती संचालनालयाचच्या जोड पालवान १८ तें २२मार्च मजगतीं बायलांखातीर प्रादेशीक रंगवण शिबीर जातलें. हें शिबीर पणजे पाट्यावयल्या संस्कृती भवनांत जातलें.हें शिबीर पांच दीस चलतलें.हातूंत गोंयासयत देसभरचीं सुमार १५ बायलां वांटेकार जातली.ह्या शिबीराचें उक्तावण आयज नामनेचे चित्रकार हनुमान कांबळी हांचे हस्तुकीं जालें.हे वेळार गोंयचे नामनेचे चित्रकार हाजीर आशिल्लें

40

पणजी वेधशाळेन  गोंयात उश्ण आनी दमट हवामानाचो अदमास उक्तायला.. फुडले 5 दीस राज्यांत चडांत चड तापमान 34 ते 35 अंश सेल्सियस मदीं उरपाची शक्यताय आसा.

आयज मुरगांवांत चडांत चड तापमान 34.2 अंश जाल्यार  पंणजे उण्यात उणे 24.6 अंश नोंद जाल्लें.

125

उत्तर गोंय जिल्होधिकार्यान एका आदेशावरवी उत्तर गोंय वाठारांतल्या सगळ्या होटेलांचे धनी,वेवस्थापन,लोजींग बोर्डींग खाजगी गेस्ट हावजीस,पेईंग गेस्ट हावजीस,घर,ईमारत फ्लेट धनी,तात्पूरती रावपाची वेवस्था करपी घरधनी आनी धर्मीक संस्थानी आपल्या कडेन येवपी गिरायकांची वळख पटोवपा खातीर गिरायकांकडेन मतदार कार्ड,वाहन चालकाचो परवानो,स्मार्ट कार्ड,आधार कार्ड पासपोर्ट अशा कागदपत्रांची मागणी करपाक सांगलां.वळख पटयल्या बगर गिरायकांक आपल्या होटेलात वा घरांत रावपाक दिवचें न्हय.तशेंच धनयांनी आपलीं गिरायकां आनी भाडेकारांची म्हायती पुलीस खात्यांत तयार केल्ल्या पथीक ह्या सोफ्टवेरांत नोंद करपाक जाय.

भाडेकारांची म्हायती लागींच्या पुलीस स्टेशनाचेर दिवपाची गरज आसा.धनयांनी आपलीं गिरायकां आनी भाडेकारांची म्हायती सांबाळून दवरची आनी गरज आसता तेन्ना अशी म्हायती पुलीस यंत्रणेक उपलब्ध करची.तशेंच उत्तर गोंयांतल्या सगळ्या राश्ट्रीय कृत बेंकांच्या मुखेल्यांनी आपल्या एटीयमानी सुरक्षा रक्षक नेमपाक आनी सि सि टिव्ही केमेरे

लावपाक सांगलां.हो आदेश फाटीं घेवंक ना जाल्यार फुडल्या ६० दिसांच्या काळा खातीर लागू उरतलो.

105

गोंय राज्य सरकाराच्या समाज कल्याण संचालनालयान २५ वरसां वा चड काळ अनुसुचीत जातिच्या कल्याणाखातीर काम करपी व्यक्ती कडल्यान डो. आंबेडकार समाजीक पुरस्कारा खातीर अर्ज मागयल्यात.१४ एप्रीलाक डो.बाबासाहेब आंबेडकार जयंती दिसा रोख २५ हजार रुपया,शाल,श्रीफळ आनी प्रमाण पत्र स्वरुपांत पुरस्कार भेटयतले.अनुसुचीत जातींतल्या घटकांचो समाजीक,अर्थीक, शिक्षणीक आनी सामान्य जिणेचो दर्जो सुदारपा खातीर काम करपी व्यक्तींक प्रोत्साहन दिवप हो हे येवजणेचो उद्देश् आसा.ह्या पुरस्कारा खातीर ६० वर्सां पिराये वयली गोंयकार व्यक्ती अनुसुचीत जातिच्या कल्याणाखातीर फाटलीं २५ वरसां काम करपी आसपाक जाय.इत्सूक व्यक्तीनी अर्ज आनी अदीक म्हायती खातीर समाज कल्याण संचालनालय ,१८ जून मार्ग,पणजी सुवातेर कामाचे वेळेंत संपर्क करचो.पुराय भरिल्ले अर्ज गरजेच्या दाखल्यांसयत सादर करपाची निमणी तारीक १एप्रील २०२५आसा.

70

वास्को मुरगांव पत्रकार लेखक संघा वतीन वरसुकी परंपरेन २१ मार्चाक सांजे वेळां सुमार चार वरांचेर राज्य पावंड्यार जेश्ठ नागरिकां खातीर चलपाची सर्त घोशीत केल्या.ही सर्त ६० वर्सां वयले दादले बायलां अश्या दोन गटांत जातली.जाल्यार ७० वर्सां वयले दादल्यां खातीरय निश्चीत आसा.दरेक गटांत पयलें,दुसरें,आनी तिसरें इनाम फावो जाल्ल्या जैतीवंतांक रोख रक्कम, प्रमाण पत्र आनी यादस्तीक भेटयतले.सर्तकानीं सर्तीचे सुवातेर सुमार ३ वरांचेर हाजीर रावन आपलीं नांवां नोंद करचीं अशें जाळवणदारानी मागलां.

इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपल्या आकाशवाणी पणजीचे  मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी सात जावण 25 मिंनटाचेर नमस्कार